## जैविक विविधताय सांबाळ पुरस्कारा खातीर अर्ज

ता. 11 जून 2024

गोंय राज्य जैविक विविधताय मंडळान जैविक विविधताय सांबाळ पुरस्कार 2024 खातीर अर्ज मागयल्यात. जैविक विविधताय सांबाळ पुरस्कार पाच वर्गांनी दितात. जैविक विविधताय वेवस्थापन समिती- उत्तर आनी दक्षीण गोंय प्रत्येकी एक, वैयक्तिक वर्ग- उत्तर आनी दक्षीण गोंय प्रत्येकी एक, जैविक विविधताय संशोधन क्षेत्र- एक पुरस्कार, जैविक विविधताय वाटोवप आनी पुर्नज्जीवन आनी संबंदीत क्षेत्रांतलो वावर-एक पुरस्कार आनी हरीत पत्रकार-एक, अशां वर्गांत पुरस्कार दितात.

नामांकन अर्ज मंडळाच्या goabiodiversity@gmail.com ह्या वेबसायटीचेर उपलब्ध आसून ते भरून गोंय राज्य जैविक विविधताय मंडळ, साळगांव सेमिनारी सामकार, साळगांव बार्देस गोंय- 403511 हांगा सुपुर्द करचे वा goabiodiversity@gmail.com वा goagsbb@gov.in चेर ई-मेल करचे.

नामांकन अर्ज स्विकारपाची निमाणी तारीख 15 जुलय 2024 आसून निमण्या दिसा सांजेची 4.30 मेरेन अर्ज गोंय राज्य जैविक विविधताय मंडळाच्या कार्यालयांत पावपाक जाय. चड म्हायती खातीर https://gsbb.goa.gov.in/ ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/248

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.